## भ्रश्टाचाराक आळो घालपाखातीर अधिकाऱ्यांची जबाबदारी म्हत्त्वाची- कांदेवेलू

30 ऑक्टोबर 2023

आपल्या प्रशासकीय जीणेत प्रामाणीकपण, नितीमत्ता आनी पारदर्शकता खूप म्हत्त्वाची आसा. आमी आमच्या समाजाच्या हिताखातीर आमची कर्तव्यां पार पाडटात, जंय आमी भ्रश्टाचाराक ना म्हणपाक जाय आनी नीतिमूल्यांचे पालन करपाक जाय, अशें प्रधान सचीव (वित्त) डॉ. व्ही. कांदेवेलू हांणी आयज पर्वरी सचीवालयातल्या सेमिनार हॉलात आयोजीत "दक्षताय जागरूकताय सप्तक 2023" कार्यक्रमात उलयताना सांगलें.

डॉ. कांदेवेलू हांणी फुडें सांगलें, भ्रश्टाचाराची समस्या सोडोवप हे अधिकाऱ्यांचे म्हात्वाचे काम आसा. आपल्या समाजातल्यान भ्रश्टाचाराचे मुळासावन उच्चाटन करपाखातीर प्रशासनातल्या सगळ्या अधिकाऱ्यांनी प्रयत्न करपाक जाय, आयज आमी भ्रश्टाचार निर्मुलनाचो सोपूत घेता आसतना भ्रश्टाचाराक कारणीभूत थारपी सगळ्यां कारणांचेर मात करून भ्रश्टाचारमुक्त समाज निर्माण करपाखातीर एकवटान काम करूया, अशेंय तांणी सांगलें.

दक्षता खात्याचे संचालक श्री. दीपक बांदेकर हांणी आपल्या येवकाराच्या उलोवपात, भारताचे पयले गृहमंत्री आनी भारताचे लोहपुरुष म्हूण वळखूपात येवपी सरदार वल्लभभाई पटेल हांच्या जयंतीच्या योगायोगान आपल्या पुराय देशात 30 ऑक्टोबर ते 5 नोव्हेंबर मेरेन दक्षताय जागृताय सप्तक मनोवपात येता, अशें सांगून दक्षताय खाते मजबूत करपा खातीर अधिकाऱ्यांक शिस्तबद्ध कारवायेची प्रक्रिया आनी कार्यपद्धतीची म्हायती करून दिवपा खातीर रिफ्रेशर प्रशिक्षण अभ्यासक्रम सुरू करपाचो निर्णय घेतला ,जाचो फायदो अधिकाऱ्यांची कार्यक्षमता वाडोवपाक आनी भ्रश्टाचार कमी करपाक मजत जातली, अशें तांणी सांगलें.

सुरवातीक डॉ. कांदेवेलू हांणी भारताचे पयले गृहमंत्री सरदार वल्लभभाई पटेल हांच्या फोटवाक फुलाहार घातलो आनी उपस्थितांक एकात्मतेचो सोपूत दिलो.

पुलीस अधिक्षक श्री नेल्सन अल्बुकर्क आनी दक्षताय संचालनालय आनी हेर विवीध खात्यांचे अधिकारी कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

डॉ.एस.पी.नाईक गोलतेकर हांणी भ्रश्टाचार प्रतिबंधक कायद्याचेर प्रशिक्षण सत्र घेतले.

दक्षताय संचालनालयाचे उपसंचालक श्री अक्षय पोतेकर हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/851

--

-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.